**<u>फाल्या दक्षीण गोंयच्या रविंद्र भवनात वाणिज्य सप्तक कार्यक्रम</u>**

ता. 24 सप्टेंबर 2021

उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयांन फाल्या ता. 25 सप्टेंबर 2021 दिसा दक्षीण गोंयांत मडगांवा रविंद्र भवनात वाणिज्य सप्तक कार्यक्रमाचे आयोजन केला. आजादी का अमृत महोत्सवाचो भाग म्हुण देशांत निर्यात उद्देगाक प्रोत्साहन दिवपाच्या उद्देशान वाणिज्य सप्तक कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येता. 20 सप्टेंबराक उत्तर गोंयांत दोनापावला हांगा वाणिज्य उत्सव कार्यक्रम जालो.

फाल्या मडगांवा रविंद्र भवनात उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयाच्यो संचालिका स्वेतिका साचन हांचे हस्तुकीं ASSOCHAM, गोंय राज्य मंडळाचे अध्यक्ष श्री. मांगिरिष पै रायकार आनी DGFT चे विदेश वेपार विकास अधिकारी श्री. व्यंकटेश राव हांच्या उपस्थितीत वाणिज्य सप्तक कार्यक्रमाचे उक्तावण जातले.

देशात उत्पादन निर्यात आनी सेवांक प्रोत्साहन दिवप हो कार्यक्रमाचो उद्देश आसा. एका दिसाच्या कार्यक्रमात निर्यातदार आनी वेवसायिकांखातीर कार्यशाळा जातली. तशेंच गोंयचे निर्यातदार, वेवसायिक आनी आप मजत गटांच्या उत्पादनांचे प्रदर्शन आयोजीत करपात येतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/789

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji